6th August2026 8.40am

आकाशवाणी पणजी

केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणीं म्हळां, कि भारतांत 'स्टोरी-टेलिंग' म्हळ्यार काणयो सांगपाची समृध्द परंपरा आसा आनी देशांत सर्जनशील प्रतिभेचो मोठो खजिनो आसा, जाच्या आदरार आमी भारताक, जागतिक आशय-निर्मिती केंद्र म्हणून घटमुट करूंक शकता.

- भारतान श्रीलंकेक विनवणी केल्या की, तांच्या अधिकाऱ्यांनी ताब्यात घेतिल्ल्यो भारतीय नुसतेमार आणि तांच्यो बोटीं, बेगीनात बेगीन सोडोवपाक सहकार्य करचे.

- भारतान पाकिस्तानाक सल्लो दिला, की तांणी पाक-व्याप्त जम्मू आणि काश्मीरातलो रक्तपात थांबवचो, बळजबरीन ताब्यात घेतिल्ले सगळे भारतीय वाठार, बेगोबेग रिकामे करचे.

- इराणान सांगलां की, होर्मुझच्या सामुद्रधुनी संदर्भात, ओमाना वांगडा कराराचो मसुदो निमण्या पावड्यार आसा.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड, झारखंड, ओडिशा, मध्य महाराष्ट्र, कोकण आनी गोंयात घोग्यांनी पावस पडपाची शिटकावणी दिवन, ओरेंज अलर्ट जारी केला.

पीएम नेटफ्लिक्स - 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणीं म्हळां, कि भारतांत 'स्टोरी-टेलिंग' म्हळ्यार काणयो सांगपाची समृध्द परंपरा आसा आनी देशांत सर्जनशील प्रतिभेचो मोठो खजिनो आसा, जाचो उपेग करून आमी भारताक, जागतिक आशय-निर्मिती केंद्र म्हणून घटमुट करूंक शकता. समाज माध्यमांवेल्या पोस्टात प्रधानमंत्री मोदी हाणी, नवी दिल्लीत नेटफ्लिक्साचे सह-मुख्य कार्यकारी अधिकारी टेड सारांडोस हांची भेट घेतिल्याची म्हायती दिली. ह्या भेटींत भारताच्या माध्यम आनी मनोरंजन क्षेत्रांतल्या अफाट संधींविषयी फुडाऱ्यांनी चर्चा केल्याचें ताणीं सांगलां. मजगती, भारताच्या प्रसारमाध्यम आणि मनरिजवण उद्देगाक जागतिक स्तरार व्हरपाच्या सामायिक उद्दिष्टाविशी या दोनुय फुडाऱ्यांनी चर्चा केली. या स्ट्रीमिंग प्लॅटफॉर्मान, 'नेटफ्लिक्स इंडिया स्टोरी-टेलिंग इनिशिएटिव्ह' सुरू करपाची घोषणाय केली. हो उपक्रम म्हणजे एक गुंतवणूक आसून, त्या वरवी 'इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ क्रिएटिव्ह टेक्नॉलॉजीज' आणि 'नॅशनल फिल्म डेव्हलपमेंट कॉर्पोरेशन' वांगडा कुशळताय विकास आनी शिक्षणात भागीदारी करून, भारतान सर्जनशील प्रतिभेच्या मुखावेल्या पिळगेक घडोवपाचे उद्दिष्ट दवरला.

भारत श्रीलंका - 100

भारतान श्रीलंकेक विनवणी केल्या की, तांच्या अधिकाऱ्यांनी ताब्यात घेतिल्ल्यो भारतीय नुसतेमार आणि तांच्यो बोटीं, बेगीनात बेगीन सोडोवपाक सहकार्य करचे तसेच, या दीर्घकाळापासून प्रलंबित आशिल्या प्रश्नाकडे पळयताना, मानवतावादी दृष्टिकोन बाळगुचो, हाचेरूय भारतान परत एकदा भर दिला. विदेश वेव्हार सचिव

विक्रम मिस्री हांच्या कोलंबोतल्या अधिकृत दौऱ्या वेळार, श्रीलंकेच्या फुडाऱ्यांकडे जाल्या चर्चेत, हो विषय प्रामुख्यान चर्चेत आयलो. मिस्री एका दिसाच्या दौऱ्याखातीर काल कोलंबोत पावले आनी तांणी राष्ट्राध्यक्ष अनुरा कुमारा दिसानायके, प्रधानमंत्री हरिणी अमर-सूर्या, विदेश वीव्हर मंत्री विजिता हेराथ आणि विदेश वेव्हार सचिव अरुणी रणराजा हांचे वांगडा स्वतंत्र बसका घेतल्यो. या चर्चे वेळार मिस्री हाणी नुस्तेमारां संबंधित मुद्द्यांर, उलोवप केले.

भारत पाकिस्तान - 150

भारतान पाकिस्तानाक सल्लो दिला, की तांणी पाक-व्याप्त जम्मू आणि काश्मीरातलो रक्तपात थांबवचो, आपल्या भूयेवेल्यान कार्यरत आशिल्या दहशतवादी नेटवर्क आड विश्वासार्ह पडताळणी, योग्य कारवाय करची तशेच बेकायदेशीर आनी बळजबरीन ताब्यात घेतिल्ले सगळे भारतीय वाठार, बेगोबेग रिकामे करचे. पाकिस्तानच्या विदेश वेव्हार मंत्र्यांनी 'यौम-ए-इस्तेह-साल' (शोषण दिन) म्हणून पाळपी दिसाबाबत, केल्या टिप्पणीचेर, प्रसारमाध्यमांच्या प्रश्नांक जाप दिताना, विदेश वेव्हार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हांणी म्हणाले की, अशा नियोजित दिखाव्यान जगाची फटवणूक जावची ना. भारतान पाकिस्तानच्या 'यौम-ए-इस्तेह-साल' पाळपाच्या प्रयत्नांचो स्पष्टपणान न्हयकार दिला. जम्मू  काश्मीर आनी लडाख हे केंद्रशासित प्रदेश भारताचो अविभाज्य आणि अतूट भाग आसात, आशिल्ले आणि सदाच उरतले. ५ ऑगस्ट २०१९साक केले घटनात्मक बदल, ही पूरायपणान भारताची अंतर्गत बाब आसा हाचेर, तांणी भर दिला. तांणी सांगले की, भारताच्या पूराय अंतर्गत विषयाचेर भाष्य करपाचो, पाकिस्तानाक कसलोच अधिकार ना. फटीच्यो खबरो पातळवपाचे पाकिस्तानचे हताश यत्न, हे फक्त दयनीय स्थिती आणि दहशतवादाचे जागतिक केंद्र आशिल्याच्या वास्तवावेल्यान, आंतरराष्ट्रीय लक्ष विचलित करपाच्या उद्देशान ते करतात, अशेंय तांणी मुखार सांगले.

इराण होर्मुझ - 100

इराणान सांगलां की, होर्मुझच्या सामुद्रधुनी संदर्भात, ओमाना वांगडा कराराचो मसुदो अंतिम पावड्यार आसा. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणीं, हो करार ह्या सप्तकात जाहीर जावपाची शक्यताय उक्तायली. हो करार जाल्यार ,जागतिक व्यापाराखातीर महत्त्वाची आसिल्ली होर्मुझ सामुद्रधुनी परत उक्ती जावपाची शक्यताय आसा. पूण, हो करार इराणाच्या बंदरांवेली, अमेरिकेची नाकेबंदी काडपाचेर निंबून आसूंक शकता. ट्रम्प प्रशासनान हाचे पयलीं इराण सामुद्रधुनीचेर पकड वाडोवपी खंयचीय कबलात न्हयकारल्या, जाका लागून अमेरिकेक व्हड लुकसाण जातलें आनी संवसारीक नेमांत खंड पडटलो. झुजा पयलीं जसो आशिल्लो तसो, हो उदकामार्ग परतून उक्तो जावचो ना, अशें सांगून इराणान ह्या सामुद्रधुनीचेर, कांय प्रमाणांत नियंत्रण दवरपाचो आग्रो धरला.

कामकाज - 70

NEET मुद्द्या वेल्यान विद्यार्थ्यांनी केल्या आंदोलना वेळार, कथित पोलीस कारवाई सयत वेगवेगळ्या मुद्द्यांचेर विरोधकांनी केल्या गदारोळाक लागुन, काल संसदेच्या दोनूय सभागृहांचे कामकाज विस्कळीत

झाले. लोकसभा दनपारा २ मेरेन तर राज्यसभा दनपारा १२ मेरेन तहकूब केली. प्रश्नकालाचे कामकाज सुरळीत चलपाक सहकार्य करचे, असे आवाहन ओम बिर्ला हाणी केले. 'प्रश्नकाल' हो कामकाजाचो एक महत्त्वाचा भाग असून, ताचेवरवी सदस्याकं जनहिताचे मुद्दे मांडण्याची संध मेळता, असे ताणी म्हणले.

GI Conference - 80

वस्त्रोद्योग राज्यमंत्री Pabitra मार्गेरिटा हाणी नवी दिल्लीत 'भौगोलिक संकेत (GI) आणि त्यापलतडी २.०' शिखर परिषदेचे उक्तावण केले. वस्त्रोद्योग मंत्रालयान हातमाग निर्यात प्रोत्साहन परिषदेच्या सहकार्यान, आयोजित केल्या या शिखर परिषदेत, भारताची समृद्ध जीआय-टॅग आशिली हातमाग आणि हस्तकला उत्पादनां प्रदर्शित केल्यात. भारताच्या पारंपरिक उत्पादनां खातीर बाजारपेठेच्या संधींक चालना दिवपाक, या कार्यक्रमात धोरणकर्ते, विदेशी खरेदीदार, निर्यातदार, उद्योगपती आणि जीआय संबंधित हितधारक एकठाय आयल्यात.

आरबीआय - 80

सगळे नियोजित वेळापत्रका प्रमाण घडल्यार, फुडल्या आर्थिक वर्षाच्या सुरुवातीक, पॉलिमर, नोटा चलनात येवपाची आस्त आसा, अशे मुंबईत आयोजित पत्रकार परिषदेत उलयताना आरबीआयचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हाणी सांगले. पॉलिमर नोटांची टिकाऊपण चड आसता. या नोटांची सुरक्षा वैशिष्ट्यां आणि हेर माहिती रोखडेच दितले. मल्होत्रा हाणी नमूद केले की, चालू आर्थिक वर्षाच्या एप्रिल-जून तिमाहीत, देशाच्या अर्थव्यवस्थेन, अपेक्षे परस चड बरी कामगिरी केल्या. पतधोरणविषयक निवेदन सादर करताना, मल्होत्रा यांनी सांगले की, रिझर्व्ह बँकेन रेपो दर ५.२५ टक्के या पावड्यार कायम दवरपाचो निर्णय घेतला.

हॉकीं- 30

हॉकींत काल तमिळनाडूच्या कोयंबटूरांत जाल्ली क्वार्टर फायनल, मॅची जिखून ओडिशा, पंजाब, झारखंड आनी मध्य प्रदेशांतले पंगड सोळाव्या इंडिया कनिश्ट दादल्या नॅशनल चॅम्पियनशिप डिव्हिजन ‘ए’ च्या सेमीफायनलांत पावल्यात.

हवामान - 100

भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड, झारखंड, ओडिशा, मध्य महाराष्ट्र, कोकण आनी गोंयात घोग्यांनी पावस पडपाची शिटकावणी दिवन, ओरेंज अलर्ट जारी केला. तशेंच हरियाणा, चंडीगढ, बिहार, छत्तीसगढ, राजस्थान, हिमाचल प्रदेश, झारखंड, मध्य प्रदेश, उत्तर प्रदेश, ईशान्य भारताचे कांय वाठार आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. दिल्लीच्या कांय वाठारांनी आयज सकाळीं पावस पडलो. राष्ट्रीय राजधानीच्या कांय सुवातींनी मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगती, उत्तराखंडांत पावस चालूच आसा, ते खातीर ऑरेंज अलर्ट जारी केला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणीं म्हळां, कि भारतांत 'स्टोरी-टेलिंग' म्हळ्यार काणयो सांगपाची समृध्द परंपरा आसा आनी देशांत सर्जनशील प्रतिभेचो मोठो खजिनो आसा, जाच्या आदरार आमी भारताक, जागतिक आशय-निर्मिती केंद्र म्हणून घटमुट करूंक शकता.

- भारतान श्रीलंकेक विनवणी केल्या की, तांच्या अधिकाऱ्यांनी ताब्यात घेतिल्ल्यो भारतीय नुसतेमार आणि तांच्यो बोटीं, बेगीनात बेगीन सोडोवपाक सहकार्य करचे.

- भारतान पाकिस्तानाक सल्लो दिला, की तांणी पाक-व्याप्त जम्मू आणि काश्मीरातलो रक्तपात थांबवचो, बळजबरीन ताब्यात घेतिल्ले सगळे भारतीय वाठार, बेगोबेग रिकामे करचे.

- इराणान सांगलां की, होर्मुझच्या सामुद्रधुनी संदर्भात, ओमाना वांगडा कराराचो मसुदो निमण्या पावड्यार आसा.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज उत्तराखंड, झारखंड, ओडिशा, मध्य महाराष्ट्र, कोकण आनी गोंयात घोग्यांनी पावस पडपाची शिटकावणी दिवन, ओरेंज अलर्ट  जारी केला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले,  आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!